**17.04 .2025 @ 7.25**

आकाशवाणी पणजी प्रादेशिक खबरा

120

प्रधानमंत्री मुफ्त बीजली सुर्यघर येवजणेचो लाव गोंयच्या 500 वयर लाबार्थ्यांक जाला अशी म्हायती केद्रीय वीज राज्य मंत्री श्रीपाद नायक हांणी दील्या. जाल्यार पयल्या टप्प्यात अर्ज केल्ल्या 346 लाभ धारकां खातीर 1 कोटी चार लाख 92 हजार रूपयाचो नीधी वितरीत केला अशी म्हायती श्रीपाद नायक हांणी दील्या. ह्या वर्साभीतर गोयात 50 % सौरउजेची कव्हरेज करपाची मोख दवरल्या अशे श्रीपाद नायक हांणी म्हणला. तशेंच प्रधानमंत्री कीसान येवजणे वरवी सध्या गोयांत 40 जाणांनी कुसुम येवजणेचो लाव घेतला. कुसुम सोलर पंम्प बसोवपाक शेतकारांनी मुखार सरचे अशे आवाहन तांणी केले. बेगीनुच डीसल पम्पाच्या बदला सोलर पम्प बसोवपाक गोयात सुरू करतले अशे तांणी सांगले.

मे म्हयन्याच्या पयल्या सप्तकासांवन पंचायतीनी प्रधानमंत्री मुफ्त बीजली सुर्यघर येवजण तशेच कुसुम येवजणेवरवी सोलर पम्प कशे मेळोवप हे वीशी जागृताय करतले अशी म्हायती श्रीपाद नायक हांणी दील्या.

गणेश 130

सगळ्या प्रकारच्या वेवसायीक परवान्या खातीर आता अर्जांत पॅन कार्ड नंबर दिवप सक्तीचो जाला. हे विशीचे परिपक्षक अर्थ खात्यान जारी केलां. सगळ्या खात्यांनी कार्यवाय करून 6 महिन्या भीतर अहवाल सादर करचो, असो आदेश सगळ्या खात्यांक जारी जाला. पर्यटन खाते हॉटेलां, शॅक, क्रुज बोटी हांची नोंदणी करता. नोंदणी खातीर अर्ज करताना पॅन कार्ड नंबर घालचो पडटलो. अर्थीक वेवहार जाता, ताचे नोंदणी खातीर पॅन नंबर सादर करपाक जाय. ड्रायवींग लायसन, पासपोर्ट हाचे खातीर पॅन नंबर लागचो ना.काय जाणान पयलीच परवाने घेतल्या. परवान्यांचे

नुतनीकरण करपाची गरज नासली जाल्यार अशा परवाना धारकाकडल्यान 3 म्हयन्या भीतर पॅन नंबर घेवप आवश्यक आसा. सगळ्या खात्यांनी/स्वायत्त संस्थांनी पॅन नंबर आवश्यक आसा अशी सूचोवणी अर्जांत करपाक जाय. पॅन नंबर आवश्यक करपा खातीर नेमात फावो त्यो दुरूस्त्यो खात्यांनी करपाक जाय. सरकारी खात्यामदी पॅन नंबराची तपासणी करपाविशी एक पद्दत तयार करपाची गरज आसा.

रश्मि 100

सुमार 200 कोटी रूपया खर्च करून गोय उद्देगीक वसणुकेंची उदरगत करपाचे काम गोय उद्बेग उदरगत म्हामंडळान सुरू केला अशी म्हायती म्हामंडळाचे अध्यक्ष रेजीनाल्ड लोरेंन्स हांणी दील्या. जाल्यार वेर्णा 2 तशेंच कुंकळे ,मडकय आनी कुंडय उद्देगीक वसणुकेनी प्रत्येकी एक बायलांचे हाॅस्टेल बांदतले अशी म्हायती तांणी दील्या. उद्देगीक वसणुकेनी कोयराचो प्रस्न उप्रासुंक लागलां.हे फांटभुयेर वेगवूगळ्या उद्देगीक वसणुकांनी MRF shed घालतले अशी म्हायती तांणी दील्या.तशेच कुंकळे उद्देगीक वसणुकेतलो उदकाचो प्रस्न सुटावो करपाच्या नदरेतल्यान काम सुरू जाला अशी म्हायती तांणी दील्या. उद्देगीक वसणुकांनी excavation करपाचे काम tender काडुनुच जाता,ते खातीर कोणे ते गोंयाभायल्या excavaters दीता असो आरोप करचो न्ही अशे उद्देग मंत्री मावीन गुदीन्हो हांणी ह्यावेळार म्हणला.

रश्मि 80

हवामान बदल आनी वाडट्या शहरी तापमानाच्या फांटभुयेर गोंय रान खात्यान शार उदरगत खात्याच्या सहकार्यान गोंयांतल्या पालिका वाठारांनी ग्रीन मीशन सुरू करपाचो निर्णय घेतला. रान मंत्री विश्वजीत राणे हांणी हे वीशी खासा बसका घेतली.ह्या बसकेंत रान आनी शारी उदरगत खात्यांतले अधिकारी, नगरपालिका

मुखेली आनी संबंदीत खात्यां सयत मुखेल भागधारक हाजीर आशील्ले. पालीका वाठारात green spaces तयार करप,तशेंच जैवविविधताय सामांळपी उपक्रम सुरू करपाचो निर्णय ह्या बसकेत जाला. ओलो कोयर, पावसाचे उदक, आनी हेर सैमीक संपत्ती उपेग करून शारांनी आशील्ल्या पाचव्या सुवातींचो तशेंच रानांची उदरगत करपावीशी लेगीत ह्यावेळार चर्चा जाली.

जान 100

राष्ट्रीय शिक्षण धोरणाची प्रभावी अंमलबजावणी करपा खातीर राज्यांतल्या सगल्या बाराय तालुक्यां खातीर एन.ई.पी. मित्र समित्यो तयार केल्यात. तालुका पांवड्यावेल्या एन.ई.पी. मित्र समितीच्या वांगड्यां खातीर पर्वरींतल्या एससीईआरटीत एक कार्यशाळा आयोजित केल्ली. ह्या उक्तावण सुवाळ्याक राज्य शिक्षण प्रशिक्षण संस्थेची प्रशासकीय संचालक सरिता गाडगिळ हाजर आशिली . गोंय राज्यांत राष्ट्रीय शिक्षण धोरणाची अंमलबजावणी सामकी सुटसुटीतपणान चालू आसा. उच्च माध्यमीक शाळेचे प्राचार्य, माध्यमीक शाळांचे दोन मुखेली, राज्य शिक्षण प्रशिक्षण संस्थेचे प्रतिनिधी, आनी भाग शिक्षण अधिकारी हांचो आस्पाव आशिल्ली ही समिती आतां दरेका तालुक्यांतल्या सगळ्या शाळांच्या मुखेल्यांक प्रशिक्षण दितली. एससीईआरटीचे राष्ट्रीय शिक्षण धोरण समन्वयक रुपेश सावंत हांणी पीपीटी वरवीं राष्ट्रीय शिक्षण धोरणा विशीं म्हायती दिली.

तापमान **40**

पणजी वेधशाळेन नोंद केल्या प्रमाण पणजेत कमाल तापमान**35** डिग्री सेल्सिअस नोंद जाला तर किमान **25.4** डिग्री सेल्सिअस आनी हवेतली आर्द्रता **66 %** नोंद जाला**.** राज्यात फुडले चार दिस **35-26** डिग्री सेल्सिअस तापमान आसतले आणि फुडले चार दिस हवामान वताळ आसले अशे वेधशाळेन कळीत केला

100

उत्तर गोय जिल्हो पंचायत वांगडी समीतीन एक राष्ट्र एक वेचणूकेक तेको दीवपाचो तशेंच केंद्र सरकारान वक्फ विधेयकात केल्ल्या दुरुस्तीक विधेयकाक येवकार दीवपी थाराव घेतला. आयज उत्तर गोंय जिल्हो पंचायतीच्या वांगड्याची सर्वसाधारण बसकेत घेतला अशी म्हायती उत्तर गोय जिल्हो पंचायत समीतीचे अध्यक्ष शंकर चोडणकार हांणी दील्या.

आनी इतल्यान हयो प्रादेशिक खबरो सोपलयो. यांचे मुखवेल्यो प्रादेशिक खबरो तुमका आयकूक मेळतल्यो **सांजेच्या 7.**वरा **२0** मिनिटांचेर नमस्कार